# <u>उपमुख्यमंत्र्या हस्तुकीं साश्ट म्हालातल्या स्वातंत्र्य सैनिकांचो सन्मान</u>

ता. 26 जानेवारी 2021

उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांचे हस्तुकीं आयज मडगावां रवींद्र भवनात आयोजीत सेनानी सन्मान कार्यक्रमात गोंय स्वातंत्र्य चळवळीक निस्वार्थ योगदान दिल्ल्या साश्ट म्हालातल्या नामनेच्या स्वातंत्र्य सैनिकांचो सन्मान केलो. रवींद्र भवन, मडगांव आनी म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन ह्या कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले.

उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाची दखल घेवपाखातीर रवींद्र भवन, मडगांव आनी म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत केल्ल्या उपक्रमाची तोखणाय केली. सरकार समाजाच्या प्रत्येक घटकाच्या कल्याणाखातीर कटीबद्द आशिल्ल्याचेय तांणी म्हणले.

गोंय मुक्तीच्या 60व्या वर्सा निमतान म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्या सहकार्यान वर्सभर वेगळे वेगळे कार्यक्रमांचे आयोजन जातले आनी हो कार्यक्रम ताचोच एक भाग जावन आसा. ह्या कार्यक्रमात श्री. वामन भिकू प्रभुगांवकर, वसंत बुधोळकर, वसंत नाईक, विष्णू पै आंगले, श्रीमती शशिकला होडारकर आल्मेदा, गंगाधर लोलयेकार, गजानन रायकर, श्रीमती सुशीला पडियार, गोपाळ चितारी आनी सर्गेस्त शाबू बाबनी देसाय (मरणोउपरांत) सन्मान केलो.

रवींद्र भवन मडगांवचे अध्यक्ष श्री. दामू नाईक हांणी येवकाराचे उलवप केले. वांगडी सचिव श्री. प्रसन्न आचार्य हेवूय ह्या वेळार हजर आशिल्ले. श्री. अनंत अग्नी हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. म्हायती सहाय्यक श्रीमती संघमित्रा फळदेसाय हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/118

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji